आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

Date : 09/08/2025 6.30 PM

राष्ट्रीय खबरो

60

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां कर्नाटकाक भेट दितले. हे भेटी वेळार ते बेंगळुरूच्या केएसआर रेल्वे स्टेशनाचेर तीन वंदे भारत एक्सप्रेस गाडयकं पाचवो बावटो दाखयतले. हातूंत बेंगळुरू ते बेलागवी, अमृतसर ते श्री माता वैष्णो देवी कटरा आनी नागपूर ते पुणे ह्या गाड्यचो आस्पाव आसा. उपरांत ते शारी जोडणी प्रकल्पांचें उक्तावण आनी 15हजार 610 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या बेंगळुरू मेट्रो फेज-3 प्रकल्पाचो बुन्यादी फातर घालतले.

30/50

भारतान ऑपरेशन सिंदूर वेळार पांच पाकिस्तानी झुजारी विमानां उडयलीं अशें हवाई मुखेल मार्शल ए.पी.सिंग हाणी सांगले. ते आयज बेंगळुरूंत सोळाव्या एअर चीफ मार्शल एल.एम. कात्रे व्याख्यान माळेत उलयतना ताणी सांगले (बयतेस20 सेक ) .हे कारवाय करतना भारतान खूब अचूक हल्ले केले आनी तिनूय सैन्या मदीं पुराय समन्वय अशे ताणी मुखार सांगले.

30

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी संवसारीक संस्कृत दिसा निमतान परबी दिल्यात. संस्कृत हें गिन्यानाचें आनी अभिव्यक्तीचें शाश्वत स्त्रोत आसून ताचो प्रभाव सगळया मळार दिसता अशें ताणी सोशल मिडियावरवी म्हणलां.

50

2024-25 वित्तीय वर्सा वर्सुकी संरक्षण उत्पादन 1.51 लाख कोटी रुपया विक्रमी पांवड्यार पावलां जें संरक्षण उद्देगीक क्षेत्र घटमूट जायत आसा असो स्पश्ट संकेत दितात अशे संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हांणी म्हणलें. ही उत्पादन वाड फाटल्या वर्सा परस 18 टक्क्यांनी चड आसा. हे खातीर ताणी संरक्षण उत्पादन खात्याची आनी हेर भागधारकांची तोखणाय केली.

55

फुडल्या दोन ते तीन वर्सांत भारताचे  संरक्षण निर्गतीत दुपेटीन वाड जावपाची शक्यताय आसा अशें संरक्षण संशोधन आनी विकास खात्याचे सचीव डॉ समीर कामत हांणी सांगलें. डीआयएटीच्या 14व्या दीक्षांत सुवाळयात ते उलयताले. भारतीय संरक्षण उपकरणांक मध्य उदेंत, आफ्रिकन आनी दक्षिण आशियांतल्या देशांनी व्हड मागणी आसा तशेच  ब्रह्मोस क्षेपणास्त्राची ल्हान आवृत्ती तयार करपाचें काम सुरू आसा, अशें ताणी सांगलें.

65

भावा-भयणींच्या खाशेल्या बंधनाचो सण म्हळयार रक्षाबंधन आयज देशभर उमेदीन मनयतात. राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी हे निमतान नागरिकांक परबीं दिल्यांत. रक्षाबंधन हो पवित्र उत्सव भाव-भयणीं मदल्या मोगाच्या आनी विस्वासाच्या खाशेल्या बंधनाचें प्रतीक आसा अशें राष्ट्रपतीनी आपल्या संदेशांत म्हणला. तशेच भारताचें गिरेस्त सांस्कृतीक दायज आनी नैतीक मुल्यां तिगोवन दवरपाची संद आनी बायलांच्या हक्कची राखण करपाचो आनी तांकां आदर दिवपाचो संकल्प आनीक घटमूट करता अशें ताणी सांगलें

90

भारतीय रेल्वेन साडेचार किलोमीटर लांबायेच्या रुद्रस्त्रा मालगाडीची येसस्वी चांचणी केली. उत्तर प्रदेशांतल्या गंजखवाजा स्टेशन आनी झारखंडांतल्या गरवा स्टेशना मदल्या 209 किलोमीटरचेर ही चांचणी जाली. ह्या रेल्वेकारणान  मालाची येरादारी बेगीन जातली जाका लागून साधनसुविधा आनी वेळ वाचतलो अशें रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हाणी सांगलां.

मजगती भारतीय रेल्वेन 'राउंड ट्रिप पॅकेज'  येवजण चालीक लावपाचो निर्णय घेतला, जाचे खाला प्रवाशांक परतीच्या तिकेटीचेर 20 टक्के सवलत दितले. दोनूय तिकीटाची आदींच बुकींग

केल्या उपरांतच ही सवलत लागू जातली, आनी संबंदीत प्रवाश्या खेरीच हेर खंयच्याच मनशाक हे तिकेटीन प्रवास करपाक मेळचो ना अशें रेल्वे मंत्रालयान निवेदनांत म्हणलां.

40

प्रशासकीय सुदारणा आनी भौशीक कागाळ खात्यान 23व्या ई-गव्हर्नन्स राष्ट्रीय पुरस्कारा खातीर मार्गदर्शक तत्वां जारी केल्यांत. मंत्रालयान निवेदनांत सांगलां की, ई-गव्हर्नन्स राष्ट्रीय पुरस्कार खातीर नामांकनां 1 सप्टेंबर सावन .nceg.gov.in पोर्टलाचेर ओंन लाईन सादर करूं येतात.

अर्ज सादर करपाची निमाणी तारीक 15 ऑक्टोबर आसतली.

30

उत्तराखंडांतल्या बाधित धराली वाठारांत मजत आनी बचाव कार्य झुजाच्या पांवड्यार चालू आसा. हवाई सेवेच्या आर्विलले तंत्रगिन्यान आनी उपकरणांच्या आदारान बचाव कर्मचारी हे कारवायेंत वांटो घेतात. आतां मेरेन 775 जाणांक सुरक्षीतपणान भायर काडल्यात.

30

जम्मू-काश्मीरांतल्या कुलगामांत आतंकवाद्यां आड चालू आशिल्ल्या लश्करी कारवाये वेळार आयज एका आतंकवाद्याक मरण आयले.जाल्यार  काल रातीं जाल्ल्या फारफेटा दोन जवान शहीद जाले आनी जायते सुरक्षा कर्मचारी जखमी जाले.

50

जागतीक तापमान वाडीचो परिणाम संवसारांतल्या लाखांनी लोकांचेर जावपाक लागला अशे संवसारीक हवामान संघटना म्हळयार डब्ल्यूएमओन म्हळा डब्ल्यूएमओच्या आंकड्यां प्रमाण संवसारांतल्या जायत्या वाठारांनी तापमान वाडीन विक्रमी आंकडो हूपलां तशेच दर्याच्या पृश्ठभागाचें सरासरी तापमानूय वाडत आसा हाका लागून खर उश्णताय आनी विध्वंसक रानवटी उज्याचो आंकडो वाडत आसा अशे डब्ल्यूएमओ म्हणला

30

भारतीय हवामान खात्यान फुडले 2-3 दीस वायव्य भारतांत चड पावस पडपाचोअदमास उक्तायला. तशेच ह्या म्हयन्याच्या 14 तारखे उपरांत देशाच्या उदेंत वाठारांनी पावसाची तीव्रताय वाडपाची शक्यताय आसा अशे खात्यान म्हला .

20

भारताचे रमेश बुडीहाल आनी किशोर कुमार हांणी आयज महाबलीपुरमांत जाल्ल्या आशियाई सर्फिंग सर्तींत दादल्यांच्या उक्त्या विभागांत उपांत्य फेरयेंत पावल घालून इतिहास रचलो.

इतल्यान ह्या राष्ट्रीय खबरो सोपल्या.